Panaji

National News

03/10/2026 @ 6.30 pm

गांवगिऱ्या अर्थवेवस्थेक नवी चालना दिवपा खातीर नरेंद्र मोदी सरकार पशुपालना भोंवतणी एक पुराय पर्यावरण यंत्रणा विकसीत करता अशें केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह हांणी सांगलें; गायांच्या शेणां वरवी बायोगॅस आनी सेंद्रीय सारें तयार करप ते दुदाच्या उत्पादनांचेर प्रक्रिया करप आनी बाजारपेठ दिवप अशो गजाली आस्पावतात. आयज भोपाळांत जाल्ल्या राज्य पांवड्यावेल्या 'गो-पालक सम्मेलनांत' उलयतना शाहा हाणी  सांगलें कि  सहकार मंत्रालयाची थापणूक जाल्ल्यान पशुपालनाचो सगळयांत व्हडलो फायदो जातलो.

भारत मुक्त वेपार संबंदांचें  जाळे विणटा आनी निमाणें संवसारांतल्या सुमार 75-80 टक्के अर्थवेवस्थाचो आस्पाव करपाक शकता अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. यूएस इंडियन कम्युनिटी  फावंडेशनान शिकागोंत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत उलयतना गोयल हांणी सांगलें की, भारतान फाटल्या वर्सांनी वेपारी वाटाघाटींचो लक्षणीय विस्तार केला आनी सध्या आनीक जायत्यो चर्चा सुरू आसात. ह्या वाढत्या जाळयाक लागून भारतांतल्यान वावुरपी कंपनींक खूब व्हड आंतरराष्ट्रीय बाजारपेठेंत प्रवेश मेळटलो अशें तांणी सांगलें. 2014 वर्सा पयलीं भारताचे अर्थवेवस्थे कडेन मुक्त वेपाराचे कबलात आशिल्ली आनी एकठांय जीडीपी सुमार 10 ट्रिलियन डॉलर्स आशिल्ले अशें गोयल हांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सा पुराय करतात; हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक प्रयत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत, ईशान्य भारतात उदरगत पावोवपी येवजण–वरवीं ही नदर कशी चालीक लायल्या हाची एक देख आमी तुमचे मुखार सादर करतात. समस्या ही केन्नाच ईशान्येच्या भूंयवाठारा विशी नाशिल्ली. कितल्याशाच दसकां सावन 'अंतर' हें निमित्त मुखार सारून, ईशान्य भारताच्या उदरगतीक कळाव जातालो. ब्रॉड गेज

रेल्वेमार्ग अगरतला आनी नाहर-लागुन मेरेन पावलो. उपरांत, सप्टेंबर 2025 वर्सा, 'बैराबी-सैरंग' मार्गांतल्यान आयझोल रेल्वे नेटवर्काक जोडले आनी मिझोरामाक पयली रेल्वे सेवा मेळ्ळी. ईशान्येकडलीं राज्यां आतां, भारतांतल्या सगळयांत नेटान उदरगत करपी वाठारांमदीं येतात. काश्मीराक मात, चड वेळ लागलो. उधमपूर-श्रीनगर-बारामुल्ला रेल्वे मार्ग, पुराय बांदपाक 28 वर्सां लागली. हो मार्ग चिनाब न्हंयेचेर बांदिल्ल्या, संवसारांतल्या सगळयांत उंच रेल्वे पुलावेल्यान वता. हो मार्ग जून 2025 वर्सा सुरू जाला आनी शियांच्या दिसांनी लेगीत उक्तो आसता. पयलीं पावपाक कठीण आशिल्ल्या सुवातांचेर, आतां सोपेपणान पावप शक्य जाला.

जपानांतल्या नागोया हांगा चालू आशिल्ल्या आशियाई खेळां सर्तींत भारतीय कुस्तीगीर अमन सेहरावतान उत्तर कोरियाचो संवसारीक विजेतो चोंग सोंग हान हाका 11-7 अशी रोमांचक फायनलींत हारयलो आनी दादल्यांच्या 57 किलो वजनी गटात भांगरा पदक मेळयलें. हांगझोऊ आशियाई खेळां सर्तींत कांस्य पदक जिखपी या 23 वर्सां पिरायेच्या भारतीय खेळगड्यान एक हुशार आनी आव्हानात्मक प्रतिस्पर्धी हान हाका रोखपाक आणि भांगरा पदक जोडपाक उत्कृष्ट रणनिती वापरली. देशांची वट्ट पदकांची संख्या आतां 82 जाल्या, तातूंत 20 भांगरा, 26 रुप्या आनी 36 कांस्य पदकां आसात.

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेशांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच फुडल्या 24 वर्सा पंजाब, हरियाणा, राजस्थान, उत्तर प्रदेश, गुजरात, मध्य प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, तशेंच बिहार, झारखंड, छत्तीसगढ आनी महाराष्ट्रांतल्या कांय वाठारांनी नैऋत्य पावस फाटीं सरपा खातीर परिस्थिती अनुकूल आसपाची शक्यताय आसा अशें सांगलां.हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण फाल्यां मेरेन आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांगा गडगड आनी विजांच्या कडकडाटा सयत नेटाचे वारें व्हावपाची शक्यताय आसा.